# बुद्दीबळ खेळाक लागून भुरग्याच्या बुद्दीचो विकास जाता-श्री.काब्राल

ता. 28 डिसेंबर 2018
7 पौष 1940

बुद्दीबळ खेळाक लागून भुरग्याच्या बुद्दीचो विकास जाता आनी भुरगें मानसीक रितीन घटमूट जाता आनी खेळा वांगडा शिक्षणातय गुणवान जाता, अशें वीजमत्री श्री. निलेश काब्राल हांणी खोर्ली-म्हापसा हांगा बार्देस म्हाल बुद्दीबळ संघटना आनी सारस्वत विद्यालयाच्या जोड पालवान आयोजित केल्ल्या पयल्या बार्देस बुद्दीबळ सर्तीच्या समारोप कार्यक्रमात उलयताना सांगले.

फुडें उलयताना श्री. काब्राल हांणी आयोजाकांचे तशेंच सर्तीतल्या जैतवंताचे अभिनंदन करून अशा सर्तीतल्यान राज्य तशेंच राष्ट्रीय पातळीचेर सर्त करपी बुद्दीबळ खेळगडे तयार जावपाक मदत जातली, अशें सांगले.

म्हापशेंचे नगराध्यक्ष श्री. रायन ब्रागांझा हांचेय हयावेळार उलवप जाले.

श्री.काब्राल आनी ब्रागांझा हांचे हस्तूकीं सर्तीतल्या जैतवंतांक इनामां भेटयली.

श्रीधर काकुलो महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. संतोष पाटकर, बार्देस बुद्दीबळ संघटनेचे अध्यक्ष श्री. विश्वास पिळर्णकर, श्री. प्रविण बर्डे आनी हेर वांगडी हयावेळार हजर आशिल्ले.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2018/1851